## माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

**३०-३-२०२२**

माननीय सदस्य,

१.सगळ्यांत पयलीं, आठव्या विधानसभेच्या पयल्या अधिवेशनात नव्यान निवडून आयिल्या विधानसभेच्या सदस्यांनी आमदारकीचो सोपूत घेतलो.

२. हें अधिवेशन म्हज्याखातीर खास आशिल्लें कारण ह्या सभाघराचे सभापती म्हणून म्हजीं आनी उप-सभापीत म्हणून श्री. सुभाष फळदेसाई हांची निवड जाली. हांव सगळ्यां माननीय सदस्याचो आभारी आसा.

३. ह्या उपरांत गोंय राज्याचे माननीय राज्यपालांचे अभिभाषण जाले. राज्यपालांच्या अभिभाषणाची प्रत सभागृहाच्या पटलाचेर दवरली.

४. Suspension of Rules under Rule 306 of the Rules of Procedure and Conduct of Business of the Goa Legislative Assembly

फक्त ह्या अधिवेशनाखातीर हो प्रस्ताव ह्या सभाघरान मानून घेतलो.

५. माननीय सदस्यांचीं, Panel of Presiding Members वर्स (२०२२-२३) आनी कामकाज सल्लागार समिती समितीचेर नेमणूक जाली.

६. ह्या भायर २२ शोक निर्देशक सुचना आनी ७ अभिनंदनाचे प्रस्ताव आयलें. तें सभागृहान एकमतान मानून घेतले. सभाघरान संमत केल्ल्या ३ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्याचे सभाघराच्या निदर्शनाक हाडले. सरकाराकडल्यान २३ कागदपत्रां सभागृहाच्या पटलाचेर दवरली.

७.अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०२१-२२ (तिसरो गट) सभागृहामुखार मांड्ल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन, मतदानांक घालून, सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक,२०२२ मांडून विचारांत घेवन, मतदानांक घालून सभागृहान तें विधेयक संमत केले.

८. माननीय मुख्यमंत्र्यान डॉ. प्रोमद सावंत, हांणी वर्स २०२२-२०२३ खातीर गोंय राज्याचो अर्थसंकल्प विधानसभेत सादर केलो.

९. २०२२-२०२३, ह्या वर्साखातीर लेखानुदान सभागृहामुखार सादर करून तांचेर चर्चा जावन आनी मतदानांक घालून संमत केले. हाका जोडून गोंय विनियोग (लेखानुदान) विधेयक २०२२ मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभागृहान तें विधेयक संमत केले.

१०. हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सहकार्य केल्यान हांव माननीय मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभाघराचे माननीय जेश्ठ सभासद, श्री. दिगंबर कामत, माननीय उप-सभापती, श्री. सुभाष फळदेसाई, माननीय मंत्री, माननीय आमदार हांचोय आभारी आसा.

११.तशेंच, सचिवलातले आनी सरकारी खात्यांतले सगळें अधिकारी, कर्मचारी आनी मिडीया हांच्या सहकार्याखातीर तांचोय हांव आभार मानता.

१२. आतां आमी राष्ट्रगिताखातीर उबें रावूंया.

-------------------------*************--------------------

१३. हांव आतां सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.